पंध्रवड

र. वि. पंडित

श्री. र. वि. पंडित हांच्या 'म्हजें अुतर गावड्याचें' ह्या कविता-संग्रहा संबंदान बरयतना नामनेचे कवि डॉ. मनोहरराय सरदेसाय; एम्. ए., डी. लिट् (पारिस) म्हणटात :

"गावड्यांच्या संगतींत
जो जियेला,
गावड्यांचीं सुखांदुखां जाणें
आपलींशीं केल्यांत,
गावड्यांची भास
जो सहजतायेन अुलयता
आनी गावड्याचो भेस जरी नासलो
तरी ताजो हावेस
जाच्या रगतांत सळसळटा
अशा मनशान गायिल्लें हें गीत.
मिरांत नासतना,
लजभीड धरी नासतना,
हडूं फुडें काडून 'हांव गावडो'
अशें म्हणपी
हो पयलोच कवी.
गावड्यावरी
हें अुतर अुगडें नागडें
ताका मातयेचो वास येता,
ताका मिठाची खारसाण आसा.

(तिसऱ्या कव्हरार पळेयात)

मोल साडेतीन रुपया

K. Gokuldas Prabhu,
CORPORATION BANK

K. Gokuldas Prabhu,
CORPORATION BANK

चंद्रावळ

र. वि. पंडित बी. ए.

कोंकणी भाशा मंडळ, मुंबय

मोल साडेतीन रुपया

© सौ. सुषमा पंडित

पयलें छापप :
२६ जानेवारी १९६३

मुखचित्र :
जी. टी. बांदोडकार

छापपी :
वि. पु. भागवत
मौज प्रिंटिंग ब्यूरो
खटाववाडी, मुंबय ४

उजवाडावपी :
अेफ्. जे. मार्तिरीस
कोंकणी भाशा मंडळ
रामचंद्र बिल्डिंग २ बी,
चर्नी रोड, मुंबय ४

अर्पण....

विनोबाजी

कै. साने गुरुजी

काकासायब कालेलकार

हांकां....

र. वि. पंडित हांचीं पुस्तकां

Gandhiji..............................1945
National Leaders.................. 1946

कोंकणी कविता–संग्रह :

धर्तरेचें कवन..........................१९६३
चंद्रावळ १९६३
आयलें तशें गायलें..................१९६३
म्हजें अुतर गावड्याचें...............१९६३
अुरतलें तें रूप धरतलें..............१९६३

धर्तरेचें कवन......... मोल रु. ३·५० नवे पैशे
चंद्रावळ .... मोल रु. ३·५० नवे पैशे
आयलें तशें गायलें............ मोल ४ रुपया
म्हजें अुतर गावडयाचें......... मोल ४ रुपया
अुरतलें तें रूप धरतलें......... मोल ४ रुपया

- पयल्या दोन कविता-संग्रहांचें मोल ६ रुपया
- निमाण्या तीन कविता-संग्रहांचें मोल १० रुपया
- पांच कविता-संग्रहांचें ...... मोल १५ रुपया

कोंकणी कविता-संग्रह मेळपाचीं ठिकाणां :

१ बॉम्बे बुक डेपो, चर्नी रोड, मुंबय ४

२ अ. ना. महांबरे, २७ झेहरा मंझिल, लेडी जमशेटजी रोड, माहीम-बाजार, मुंबय १६

अुपकार

१९५६ ते १९६३ मेरेन बरयल्ल्या कांय वेंचीक कवितांचे "धर्तरेचें कवन", "चंद्रावळ", "आयलें तशें गायलें", "म्हजें अुतर गावड्याचें" आनी "अुरतलें तें रूप धरतलें" हे पांच कविता-संग्रह आयज हांव वाचप्यां मुखार दवरतां.

ह्या वावरांत जांणी म्हाका लक्तुबायेन पालव दिलो ते म्हजे औेस्ट आनी बरें-मागपी......

■ बा. भ. बोरकार ■ रवीन्द्र केळेकार ■ मनोहरराय सरदेसाय ■ कृष्णा करवार ■ रामदास भटकळ ■ वि. पु. भागवत ■ दीनानाथ दलाल ■ सुरेश कामत ■ शंकर भांडारी ■ अेफ्. जे. मार्तिरीस ■ अ. ना. महांबरे हांचे हांव मना पसून अुपकार मानतां.

कांबळींचो बंगलो
८२९, वेंगुर्लें.
२६-१-१९६३

र. वि. पंडित

म्हज्या सगल्या काव्यांत जीं नांवां आनी आडनांवां आयल्यांत तीं पुरायेन कल्पित आसात. वाचप्यांनी तांचो कोणाच कडेन संबंद जोडचो न्हय.

र. वि. पंडित

मांडावळ

कविते, नवो अितिहास बरय	९
तुजेर जडलां मन म्हगेलें	११
जिणेचो अुजवाड पळेतां हांव	१२
देवा, तुका हांव खंय सोदूं?	१३
गाढवाची जात	२६
काळाचें चक्र	२८
मोगाचें मोल...आनी आशेचें	२९
साप अुकलावें	३०
हो भिरांकूल प्रदेश	३१
हाय! सोंपली अेक जीण	३२
अिल्लो जियेवंक शीक	३३
म्हजें अिल्लेंशें काळीज	३५
तुजी ओड	४८
अुज्याची खोड	४८
जय जय जनता जनार्दन	४९
सोन्याच्या दर्यार!	५०
मुदल	५२
तुजी म्हजी सत्ता	५२
फातराची पुजा	५२

हांव अेक ल्हान मनीस ५२
पैसो...पैसो...पैसो! ६५
सोरपाचे दांत ६६
म्हजो अुजो...तुजो गोबर ६७
'अप्रियं सत्यम्'चें कितें 'कुयात्'? ६८
कवी बाबडो मरून गेलो? ६९

जोडणी : ७४
Alas! Kasturba ७५
The Lingering Light ७६
A Love Song ७७
Slave's Blood ७८
O Build Me a New World ७९
दासाचें रक्त ८२
In this famished Goa ८३

कविते, नवो अितिहास बरय*

कविते आयज आपल्या काळजांत
तांची विसरिल्ली याद जागय...
थेंबो थेंबो रगताचो मेजून
त्यागी-जगाचो अितिहास बरय...

अुफेवन आपल्या रगतार जाणीं
आवय-भुयेंची लज राखली
समिधांवरी जळतां जळतां
कोटी कोटिचीं काळजां पेटयलीं...
कविते आयज...

झेलून छातयेर तरसादी...
पवित्रताय राखपा खातीर
हांसत हांसत मरपाचे, आनी
दिले धडे ज्या भयणींनी
कविते आयज...

स्वतंत्रतेच्या होमकणांत
ओंपून आपली फुलती जीण
मणांची, बलिदानान, आपल्या
बरयली जाणीं अमर काणी
कविते आयज...

अमर समाधिंचेर तांच्या
कविते! काळजाचीं दुखां व्हांवय

आठोवन थेंबे रगताचे, तांच्या...
कविते, नवो अितिहास बरय

थेंबो थेंबो रगताचो मेजून
त्यागी-जगाचो अितिहास बरय

* विजय बहादुर ह्या हिंदी कविच्या अेका कवितेंतली मूळ कल्पना घेवन बरयल्ल्या हे कवितेचो अणकार "साधना" ह्या मराठी नेमाळ्यांत अुजवाडाक आयिल्लो.

तुजेर जडलां मन म्हगेलें*

केंस तुजे
रेशमा – काळे...
आनिक दोळे
मळबा – निळे

तुज्या वोंठांर
रतन आबोलें...
दांतांर हांसरे
मोगरे कळे

चालींत तुज्या
हरणा चाळे...
नदरेंत मोगाचें
साळकां – जाळें

पोल्यांर तुज्या
गुलाबां झेले...
अुतरांत म्होवाळ
साळोरे अुले

देखून ओडलां
मन म्हगेलें...
तुजेर जडलां
मन म्हगेलें...

* हे कवितेचो अिंग्रजी अणकार Minimag ह्या नेमाळ्याच्या वर्सारंभ विशेशांकांत अुजवाडाक आयिल्लो.

जिणेचो अुजवाड पळेतां हांव*

न्हंये देगे वयल्या भिजिल्ल्या रेंवेंत
जिणेचो अुजवाड पळेतां हांव...
कीट्ट काळखाच्या व्होंटयेंत लिपिलें
'अुषे-सपन' पळेतां हांव

विचारांच्या स्वतंत्रतायेचेर
येतांच बणखणी–दुर्गांची बंदी...
रानावनांतल्या खडपां मदलें
झऱ्यांचें नाचप...पळेतां हांव

आपले धुंदींत गायता जंय कवी
वचत, अुथळित अुजवाडाचे कण...
गीतांतल्यान त्या नव्या युगाची
बियां-रोंपणी पळेतां हांव

व्याकुळ्ळेल्या जिवांचें रडप
तळमळटया काळजांचे अुस्वास...
हांचेकडेन तद्रुप जावन
जिणेचें दर्शन घेतां हांव...

* अेके हिंदी कवितेच्या आधारान बरयल्ले हे कवितेचो अंणकार "साधना" ह्या मराठी नेमाळ्याच्या दिवाळी आंकांत अुजवाडाक आयिल्लो.

देवा, तुका हांव खंय सोदूं?

देवा, तूं सगले कडेन आसता न्हय?
संवसारांतले दरअेके वस्तींत?
मागीर, तूं म्हाका कसो मेळना?
हांव तुका दिसपट्टो
सोदीत आसां रे...
आयज कितलींशीं वसौं जालीं
सोदीत आसां...
पुण अेकुयदा
तुजी म्हजी आजून भेट जावंक ना.
कशी रे ती जातली?
केन्ना आनी खंय?
सदां हांव तुका सोदीत आसतां
अुठल्या पसून
न्हिदूंक वचसर
अेक सारको...
वचत थंय...
भायर भितर
वयर सकयल
लागीं पयस
सगल्याक...
दीस रात, रात दीस
अेक सारको...
सकाळीं फुडें
च्याचें पयलें कोप
तोंडाक लायतना

म्हाका तुजी याद येता.
त्या कोपांत
हांव तुका सोदतां...
तूं मेळना.
तुजें नांव
अमृता परस गोड (संतांनी सांगलां).
तूं त्या परस आसूंक जाय.
त्या आडूक–माडूक
च्याच्या अुग्र वासांत
तूं कसो रावशीत ?
देखून हांव
सकाळच्या
वर्तमानपत्रांत
खंय तुजी
अिल्लीशी
दोन वळिंची खबर
आयल्या काय म्हणून पळेतां.
माथ्या वयल्या
रजिश्टर नंबरा पसून
निमाण्या पाना वयल्या
छापखान्याच्या नांवा मेरेन
खंय अेक तुजें नांव ना !
अेक फोटो ना...
कसलीं हीं वर्तमानपत्रां !
सम्राट रासताफारिच्या पांयांचो
अुमो घेतल्या मनशाचो
पयल्या पानार
येदो मोटो फोटो !

तीस चौरस अिंची ?
आनी
तुज्या सारक्या
विश्वसम्राटाक
अेका अिंचाचो जागो ना ?
"जोधपुरचो सरपंच सांडला !"
ताचो सोद...?
पुण तुज्या सोदाची
खबर ना !
साईबाबाचे शिरडिची खबर...
ल्हान ल्हान
जिल्हा ऑफिसरांची
तांच्या स्वागताची
हारतुऱ्यांची, भाशणांची
ताळयांची लेगीत खबर...
पुण तुजें नांव ना !
मागीर म्हळें...
वर्तमानपत्रांचे संपादपी
तुका विचारिनात
जाल्यार तुवें तरी खंय
तुजी ल्हानशी जायरात
दिल्या जाल्यार पळोवंची
ज्योतिशांच्यो, वखतांच्यो, रिणांच्यो
पुस्तकांच्यो...शिक्षण–क्लास
आरोग्य, विक्री...
पत्र–मित्र, वधु–वर,
'जागा–भाडयान'
'वैयक्तिक' 'आसा–जाय'

सल्लो विशयक
जल्म-मर्णांच्यो
सगल्यो जायराती...
ल्हान व्हड
वाचून काडल्यो
पुण खंय म्हळ्यार खंयूच
तुजें दर्शन ना.
अखेर "पत्तो बदल्ला"
ह्या सदरांत
तुवें आपलो
पत्तो बित्तो बदल्ला
जाल्यार पळेलें.
थंय तरी तुजो पत्तो लागत...
"सांडलो"
ह्या सदरांत
तूं खंय बेपत्ता जाला
काय पळेलें
ना-ना !
"जाय" ह्या सदरांत
निदान तूं कोणाक
जाय काय म्हणून पळेलें...
ना. ना...
तूं सोडून सगलें जाय
मिनाचे फातर लेगीत जाय
तूं मात् नाका...
तुजो
कसो केल्यार खंयूच पत्तो
लागना रे...

देवा, तुजी रास
म्हाका खबर ना...
देखून
सगल्या राशिंचें भविश्य
वाचून काडलें
"साभार–पोंच"
ह्या सदरांत
तुजेर अेकाद्रें
पुस्तक, दुसऱ्यान बरयल्लें वा
निदान
खासा तुजें
आत्मचरित्र तरी
अुजवाडाक आयलां काय
म्हणून पळेलें...
मदींच "संभवामि युगे युगे"
अशी जायरात दिसली
म्हणून आशेन
वाचून काडली
पुण निर्शेलों·
ती जायरात
"रंगमंदिर" ह्या
मुंबयच्या अेका नाटक कंपनिची...
शर्यतिंतल्या घोड्यांची नामावळ
पळेली
'लेडी आरकॉट,' 'कमोडोर',
'चॅटर बॉक्स'
"मश्रूम" असलीं नांवां...

योग्या सारकी समाधि लावन
पाकीटभर सिगरेटी ओडल्यो...
निदान तांचो धुंवर
वातावरणांत विरून वच्चे पयलीं
तांणी केल्ल्या तरेकतरांच्या
आकृतिंतल्यान तरी तुजें दर्शन घडचें...
हजारांनी आकृति जाल्यो
आनी हवेंत विरल्यो
पुण तुजे आकृतिचें
नांव ना.
तसोच अुठलों
न्हालों धुलों
आनी रागान तुजीं
पांच पंदरा स्तोत्रां
पंजाब-मेलिच्या वेगान
भडून काडलीं...
आनी पुजेक बसलों.
फुलकारा कडल्यान
सदां तुजे खातीर नेमान
हांव दोन आण्यांचे फुलांचे तुरे
आनी माळो घेतां...
त्यो तुका घाल्यो
अुजवाती पेटयल्यो
कापूर लासलो
जप केलो...व्हडल्या व्हडल्यान...
घांट वाजयली
तरीय तुजो पत्तो ना !
जेवलों

ऑफिसांत गेलों
थंयच्या फायलींनी, पत्रांनी
हिशोबाच्या पटयांनी
तुका सोदलो...
मॅनेजराच्या रुपांत, तुका
पळोवपाचो येत्न केलो...
शिपायाक खासा तूंच कसो
दिसपाचो येत्न केलो...
दोनूय कडेन
हार खावन बसलों.
मॅनेजरूय म्हाका
तुजे सारको दिसलो ना...
हांवूय शिपायाक तुजे सारको
दिसलों ना.
तसोच फडफडलों
अुठलों
घरा आयलों
च्यांत साखर कमी घाल्लें
निमित करून
बायलेक तापयली...
तुजो राग बायलेचेर काडून क्लबांत गेलों!
थंय तरी अिस्पिकांच्या डावांत
तूं दिसशी अशें दिशिलें...
पुण
तुजें नांव ना!
तुका सोदच्या बोवाळांत
अिस्पीक खंयची
आनी बदाम खंयचो

राजा कोण आनी
गुलाम कोण
हें लेगीत विसल्लों...
चारूय अेक्के हातांत आसून
दाव हरलों...
ऑफिसांतलो राग
बायले वयलो राग
आनी क्लबांतलो राग
अश्या तीन रागांच्या...
त्रिविध तापांनी
तापलेली कूड...
दोन घडी करमणूक
करून, निवळोवपा खातीर
साठ मैल वेगान
मोटार मारीत
सरळ ‘ देव ’ म्हणून
तुज्याच नांवाच्या नटान
काम केल्ल्या अेका सिनेमाक गेलों.
तिकेट काडून भितर सर
जाल्यार
रेकॉर्ड लागल्या...
“ जो आवडतो सर्वांना
तोचि आवडे देवाला ”...
असो राग आयलो—असो राग आयलो...!
देवाक कोण आवडटा
तें म्हाका कित्याक सांगता...?
देवाक आवडटा
तो म्हाका खंय जाय!

म्हाका खुद देवूच जाय...!
कोणाकूच कशें कळना...
तोय खंयूच कसो मेळना ?
खंय मेळता हेंय कोण सांगना...
अुट्टा तो आपलीं
पुराणां सांगूंक बाड–नसतो फराळ
"देव तेथेंचि जाणावा"
देव येथेंचि जाणावा...!
सोदूंक गेल्यार
खंयूच मेळ मात ना...!
देवा, हांवें तुका मेळचो तरी
खंय रे ?...
दर आयतारा
हांव सिनेमाक वेतां
थंय तूं नासता
सप्तकांत दोन वेळ
बँकेंत वेतां
थंय तूं केन्नाच नासता.
कित्याक...
म्हजें सेव्हींग ॲकाअुण्ट
आसलें थंय आसा...
चार पांच आंकडयां परस मोटयो
रकमो तातूंत
केन्नाच जमा जावंक नात रे !...
तूं म्हणचे रमापती
सिनेमांतलो नट
'देव' वेगळो आनी तूं वेगळो...
तूं म्हणचे लक्ष्मीपती...

तूं म्हज्या बँक बुकांत
कसो सामावशीत !...
हांव मर्दी मर्दी
कोडीं सोडयतां...
सिनेमा नाटकां पळेतां
क्रिकेटच्यो मेची पळेतां
सर्कशी पळेतां...
चळवळींनी भाग घेतां
पाटयांक हाजीर रावतां
भाशणां जाल्लीं कि टाळयो मारतां...
सांस्कृतिक कार्यक्रमांत
वांटो घेतां, फेस्तां करतां.
मानिफेस्तां मारतां ! सोर्ती काडटां.
ब्लॅक करतां...सगळें तुजे खातीर...
तुजे खातीर ही
म्हजी अष्टविधा भक्ति
अेक सारखी चलत आयल्या
आयज कितलींशीं वर्सां...
पुण तुजें दर्शन मात्
लक्ष्मीपती
आजून म्हाका घडूंक ना.
देवा, तूं म्हाका तें केन्ना, खंय
आनी कसल्या रुपान
दिललो रे ?
देवा, बेगीन सांग ...
म्हजी जीण फुकट वचत चल्ल्या !
म्हाका तुजे कडल्यान
कितलेशे

वर मागून घेवपाचे आसात...
वेगीन सांग...
देवा, म्हाका...
तुज्या दर्शनाचो ध्यास लागला रे !

वेंगुर्ले, २१-१२-६०

गाढवाची जात

‘ गाढव ’ हो प्राणी...
संवसारांतल्यान
नाच जायत जाल्यार...

‘ गाढवा सारको ’
‘ गाढवपण ’
‘ गर्दभस्वर ’
‘ गाढव पंचविशी ’
हांचे सारकें...
भारताच्या
सगल्या भासांनी,
गाढवा वयल्यान आयिल्लें
सोबीत शब्द-भांडार...

आनी ‘ गद्धा ’, ‘ गाढव ’
हाचे सारकीं खर विशेशणां

आपशींच
ना जातलीं...!

आनी, ह्या चार पायांच्या प्राण्यांची,
आपल्या कर्तुपान
खिणा खिणाक याद दितल्या
मनशांची तोखणाय (!)
खंयच्या अुतरांनी करची...

असो अेक नवोच ‘ भाशीक-प्रस्न ’
फुडले पिळगे मुखार
अुबो रावतलो ! !

* हे कवितेचो मराठी अणकार “ भारती ” तल्यान अुजवाडाक आयिल्लो.

काळाचें चक्र

काळाचें चक्र
अेका सारकें घुंवत आसा...

गप्प करीत
कोटयांनी जिवितां
आपल्या क्रूर दांतच्यां मदीं.

जिवितां...
जांव, जळारींवरी
किकोत जीवांचीं...
जांव, देवा सारक्या व्हडव्हड
मनशांचीं...
काळ तीं तोलता, मोलता
अेकाच मापान.

पुण, देवपणाक चडिल्ल्या मनशांच्या
समाधींतल्यान...
गुंजत रावता, अेक ताल...

...जो, निनादून
सगल्या मनीस–कुळयेंतल्यान...
मेळयता जैत...

काळाचेर...सदांकाळ !...

* हे कवितेचो अणकार Hind-Praja ह्या अिंग्रजी नेमाळ्यांतल्यान अुजवाडाक आयिल्लो.

मोगाचें मोल...आनी आशेचें

हांव तुका मोगान
अेक पैसो दितां.
तूं म्हाका
कितें दितोलोय ?

रुपया.

खरेंच ?

आनी
तो रुपयाच
हांवें तुका
परतो
दिलो जाल्यार...
कितें ?

मोड दितलों.
त्या
रुपयाचीच !

पाळें, ५-९-६२

साप अुकलाबें

म्हजें मन
जगा वेगळें...

कित्यांतूच रमना
कोणाकूच गमना

आयज
हांगा रमलें
फाल्यां थंय
रमलें.

परवां
रागार फुगार
जावन
भरकटत
खंय पावलें
कोण जाणा !

अशें म्हजें मन...

वाऱ्या वयल्या
कुपां सारकें...
अुदका वयल्या
ल्हारां सारकें...
साप अुकलाबें !

पाळें, २६-३-५९

हो भिरांकूल प्रदेश*

फुलबागो सगल्यो हांगच्यो
बाबुलिचीं वनां...
घराघरांतल्यान हांगा
पिचतात मनां...

गायनात कोगळी हांगा
राज्य गिदाडांचें...
पाय – वाटांचेर सगल्या
व्हाळ रगताचे...

"चिरंजिवा" गेर हांगा
"मर्णान" बिराड केलां...
"मेकळीक" जिवी हांगा
बेडयांत आडखळ्ळ्या...

मायेस्त मोगाक हांगा
घडटा रगता न्हाण...
संवसार चेतन हांगा
जाला...अचेतन...!

* हे कवितेचो मराठी अणकार "भारती" ह्या नेमाळ्यांत उजवाडाक आयिल्लो.

हाय ! सोंपली अेक जीण....

त्यागाची शीम आनी
पवित्रतायेची सुंदरताय
आकार नाशिल्ल्या निर्गुणाची
सोबीत बरी प्रतिमा...

जावन जी अुरिल्ली
ह्या संवसारांत
विजेवरी लिकलिकीत हाय....
सोंपली आयज, अेक जीण.

'खऱ्या'चें खर ओज
'शिवा'चें निजाचें तेज...
काळजांत वसतालीं जाच्या...
शांत-रुद्र रूप घेवन,
माये मोगान राखपा खातीर,
चिडुल्ल्यांची शक्त जावन...
हाय,...धाय दिशांक आयज
मेटलीं ताचीं किर्णां...

मायेमोगाच्या वोतावरी...
धर्तरेर फांकारिल्ली...
हाय ! पालोवली आयज अेक जीण.

पूज्य साने गुरुजिंच्या मर्णाची दुःखाची वार्ता आयकल्या बराबर बरयले हे कवितेचो अणकार " किरात " ह्या मराठी नेमाळ्याच्या " साने गुरुजी " खाशेल्या आंकांत अुजवाडाक आयिल्लो.

अिल्लो जियेवंक शीक

हजारांनी साकरेचे बस्ते तुवें हाडले
लाखांनी रुपयांचें खोबरेल भायर धाडलें
सिंगापुरसून आणि येरोपाकसून
तरेकतरेचें सणंक हाडून
गोंयभर पातळायलें...

हजारांनी तरेकतरेच्या
खाणाचे डबे, चेरांच्यो
लोसावांच्यो बाटल्यो...
जिनसा-जिनसांच्यो...
हाडल्यो, विकल्यो...
परत्योय हाडल्यो परत्योय विकल्यो.
आनी आजुनूय हाडीत आसा !

पापया, अेक जर्दाळू फोडटलो जाल्यार
तुका दांत ना.
अिल्लेंशें पचयतलो जाल्यार भूक ना.
गोड खावपाक, दोतोरांचें लिसेंस ना (!)
माथ्यार अिल्लेंशें तेल ओत्तलो म्हळ्यार,
थंय अेक केंस ना.

चेराचो वास घेवपाक नाक (!) ना...
आंगोस्तरा बगर, आनी...
लांडया हातकाप्या बानयनां बगर,
हेर कसलेच कपडे घालपाक तांक ना...

तिजोरेंतल्या नोटीं-कवळ्यांची...
आनी हिसपा-पटयांतली...हिरोबाची सुंदरताय (!)
सोडळी जाल्यार
हेर कसलेंच सौंदर्य पळोवपाक वेळ ना...

जाल्या पापया, येदी घडामोड...
माथ्याची येदी फोडाफोड
कित्याक करताय?

व्यापार करपांत, ताचे खातीर मरपांत
सगलो जल्म गेलो...
आतां थोडो जियेवंक शीक!
जियेवंक शीक!!

ना जाल्यार, खरोच मरतलोय!
बेगीन मरतलोय!!
मरचे पयलीं
शिल्लो जियेवंक शीक!!!

वेगुर्लें, १०-१२-६०

म्हजें अिल्लेंशें काळीज*

म्हजें अिल्लेंशें काळीज
टिक् टिक्ता...
दीस–रात, रात–दीस
म्हयन्याचे म्हयने
वर्सांचीं वर्सां
कितलींशीं वर्सां
जालीं आयज
...कित्याक कोण जाणा ?
कशें कोण जाणा ?
थार नासतना
अेक सारकें
टिक् टिक् टिक् टिक्
दीस्त घडयाळावरी
टिक् टिक्ता.

घडयाळाच्या काळजाक
कांटे आसतात.
म्हज्या ते नात.
नात म्हणचे, तशे आसात
पुण
भितल्ले भितर
दिसपाचे नात.

घडयाळाचे कांटे.
आपणा भोंवतणी घुंवपी. ..

म्हज्या काळजाचे
दुसऱ्यांक धुंवडावपी !
हांवें पळोवंक नात
पुण
धुंविल्ले लोक सांगतात
तें आयकून जाणां.

वडयाळाक चावी आसता.
म्हज्या काळजाकूय बी
ती आसा.
मात्
ती चावी वेगळी
ही वेगळी.
ती
परती परती
दिवंची पडटा.
मोडल्यार
दुसरी बसोवंक येता.
ही
अेकदाच दिवन दवल्ल्या.
आनी
अेकदा मोडली
म्हणटकूच
कायमची बंद पडटा.
हिची
घडणुकूच तशी
मोटी अजापाची !

म्हजें काळीज
केन्ना
टिक् टिकूंक
लागिल्लें काय !
हांव जाल्लों
तेन्ना पसून ?
शे, शे...!
त्या पयलींच कितलेशे म्हयने...

आवयच्या पोटांत
ना रंग, ना रूप
असो हांव
अेक मासाचो गुळो आशिल्लों
तेन्ना पसून !

तेन्ना पसून
आयज मेरेन
म्हजें काळीज,
म्हज्या हड्ड्यांत
अेकुयदा
बंद पडनासतना,
अेक सारकें
अितलीं वर्सां
टिक् टिक् टिक् टिक्
टिक टिक्ता.

...म्हजे कुडींत
काळीज जालें तयार पयलें...

मागीर म्हज्रो जल्म.
...आनी गिन्यान ?
तें खूब अुपरांत आयलां !

काळीज म्हणून
अेक अवयव
कुडींत आसता
हें म्हाका
कळ्ळां लेगीत
खूब अुपरांत...

गिन्यान गिन्यान
म्हणून हांव म्हणटां तें
खरें गिन्यान
म्हाका आयलां व्हय ?

आत्मशक्तिची
जाणविकाय जावन
येता तें गिन्यान !...
त्या गिनान्याचो
म्हाका दिसता
म्हाका गंधूय ना.

तें गिन्यान
आशिल्ल्या मनशाक
"अहं ब्रह्मास्मि"
सगलें ब्रह्मूच आपलें
आनी

आपुण सगल्या
ब्रह्माचो अंश
अशें दिसता.

अश्या मनशाच्या काळजाक
कांटे आसूंक फावनात.
भितल्ले भितर लेगीत...
म्हज्या, ते आसात.
खूब आसात...
दुसऱ्यांचीं काळजां
छिन्नविच्छीन्न
आनी रगत-बंबाळ
करी अितले
तीक्ष्ण धारेचे कांटे...
हांव बेस बरें जाणां.

मागीर
गिन्यान म्हाका आयलें
अशी ओगीच
फट् कित्याक मारूं ?
तें येवंक ना.
आजून येवंक ना...
अितलेंच न्हय
तर येवपाचे
वाटेर लेगीत ना !

जेन्ना येयत,
तेन्ना येयत

गिन्यान आसूं
नासूं...
म्हजें भिलेंशें काळीज
बाबडें
टिक् टिक्ता.
अविस्रांत, रातदीस
वर्सांचीं वर्सां.

देखून
गिन्यानाय परस
मनशाचें काळीजूच
व्हड आसूंक जाय !

गिन्यान नासतना
मनीस जगता.
काळजा बगर जगत ?
जगूंक शकत घडये
कोणें सांगचें ?...

सगले तरेचीं
काळजां तरी
हावें खंय पळेल्यांत !

परतीं काळजां
फातराचीं काळजां
काळजां भितल्लीं काळजां...
अेक आनी दोन तरा !

दर मनशाक
ह्या पैकीं
दोन तरी काळजां
आसतातूच खंय !

अेक,
वयले वयर
मासाचें तांतीं कशें
टिक् टिक्ता तें...
आनी दुसरें
ह्या काळजाचे
भितल्ले भितरूच
आसता तें...
अद्दश्य काळीज...

धर्तरेचेर
मोग दुस्मानपण
सुख दुःख
सर्ग आनी नर्क
निर्माण करपी काळीज.

संवसारांत
प्रेमाचो परमळ
वा दुस्मानपणाचो अुजो
फाफुडपी
हीं दुसरीं काळजां खंय
दोळ्यांक दिसनात.
आनी दिसनात तीं
अेका अर्थान बरीं...

कोणाकूय
आपल्या काळजांत
कोडू वीख
भल्लेलें आसतना लेगीत
वयल्या वयर
पोल्यांतल्या पोल्यांत हांसून
गोड गोड अुलोवन
नाटक करूंक मेळटा.
दुसऱ्याक भुलोवन
फुसलावन
वेळ मारून व्हरूंक
मेळटा.
ना जाल्यार
माणुसकी नासली.

म्हाकाय असलें
भितल्लें
दुसरें काळीज आसा काय ?
म्हाका दिसता
आसूंक जाय...

हांवें
प्रेम चडशें करूंक ना...
अुजो खूप पेटयला !
दुसऱ्यांक हांसोवंक
तितलेशें ना...
ढळढळीत रडयल्या
खूब ज.णांक !

आनी
मुख्य म्हणचे....
आजुनूय
खूब खूब अुजो पेटोवंचो...
कांयूच ना जाल्यार
अुजो पळेलो
कि तातूंत
पेत्रोल तरी ओतचें
अशें म्हाका
मना पसून दिसता !

त्या अर्थीं
हें दुसरें
अदृश्य काळीज म्हाका आसा...
अितलेंच न्हय
तर
चार चौगांच्याकूय तें
बरेंच मोटें आसा
म्हणपाची खात्री जाता.

...आनीक खंय
मनशाचे कुडींत
टिक् टिक्ता
त्या काळजा परसूय
खरें मोलाचें काळीज
तें हें दुसरेंच.

टिक् टिक्ता तें काळीज
बंद पडलें...

ताची चावी सोंपली
म्हणटकूच मनीस थंड जाता.

लोकांक
त्या मनशाची
बरी वायट याद
मागीर अुरता
ती खंय
ह्या दुसऱ्या काळजाकूच लागून.

आनीक खंय
मनशाक
देव वा देवचार करपाचें
खरें बळगें आसता
तेंय बी ह्या दुसऱ्याच काळजांत !

...म्हणचे?
दोन काळजां पैकीं
म्हजें मुखेल काळीजूच
वायट आसा म्हणना !
मागीर कशें जावंचें?

बरें रोंपल्यार
बरें मेळटलें
मोग रोंपल्यार
मोग...
अुजो रोंपल्यार अुजो
सुख रोंपल्यार सुख

आनी दुःख रोंपल्यार दुःख
अशेंच तें
दुसरें काळीज
म्हाका
दीस–रात सांगना मूं ?...

टिक् टिक् टिक् टिक्
बरें कर, बरें कर
टिक् टिक् टिक् टिक्
टिक् टिक् टिक् टिक्

बरें कर... बरें कर !...
चावी सोंपचे आदीं कर...
चावी सोंपचे आदीं कितें
तें बरें कर...
अशेंच खात्रेन
तें म्हजें
अिल्लेंशें काळीज
म्हाका
सुचयता जावंक जाय.
रात–दीस, याद दीत
रावता जावंक जाय.

पुण मनशाक
सट् करून
गिन्यत्न येता ?
चड करून
म्हज्या सारक्या ?

आनी चडशे मनीस
संवसारांत
म्हजेच सारके न्हय ?

देव खूब थोडे...
बाकी सगळे देंवचारूच...
कांय ल्हान, कांय व्हड.
अितलोच फरक.

जेवतासतना, खातासतना
न्हिदतना, अुठ्ठना
बसतना, भोंवतना
न्हिदल्या अुपरांतूय बी
काळजां बाबडीं धडधडटात.
दीसरात, रातदीस...
म्हयन्याचे म्हयने
वर्सांचीं वर्सां.
टिक् टिक् टिक् टिक्...

पाळण्यान अुरग्याक
घालचे पयलीं पसून
ती
ताची पालखी अुबारी मेरेन...!
टिक् टिक्तात.
न्हिदेंत लेगीत बाबडीं
जागयतात.

. . पुण आमी ?
न्हिदेंतूय न्हिदलेले
आनी, जागे आसतनाय
बी न्हिदलेलेच !

आमकां
आमच्याच काळजांची
भास कळना...
दुसऱ्यांच्या
खंयची कळटली ?

कशी कळटली ?

टिक् टिक् टिक् टिक्
टिक् टिक् टिक् टिक्
म्हजें अिल्लेंशें काळीज
टिक् टिकूता...

पार्लें, २२-२-५६

* म्हजी पयलीच कोंकणी कविता.
— र. वि. पंडित

तुजी ओड

तुजी ओड
आनी म्हजो मोग

मेळून...

म्हजें काळीज घोलता.

तुजें काळीज
घडये
हुलपुंये !

पाळें, ७-४-५९

अुज्याची खोड

अुजो म्हणचे अुजो...

रागान हात लाय
वा मोगान...

हात हो
लासतलोच !

पाळें, २९-५-६२

जय जय जनता जनार्दन*

जनता पृथ्विची शक्त
जनता धर्तरेचें बळगें...
भूत, भविश्य, वर्तमानाची
जनताच खरी हालचाल

जनता जेन्ना अुगडी दोळे
जगांत जागी फांतोड फुलता...
जनता आनीक जेन्ना ते धांपीत
धाय दिशांक काळोख घोलता

जनता धर्तरेची नाट, गिन्यान...
जनता कळा, संस्कृताय, विज्ञान
जनताच संवसाराची गती
संवसार ल्हान, जनता म्हान

आपल्या नित्य त्यागान जनता
सदां नवो अितिहास घडयता...
रगताचे आपल्या व्हांवोवन हुंवार
धर्तरेची तान भागयता

जिच्या साळका-पावलांचेर सदां
व्हड व्हड सम्राटांचे मुकुट...
आनी सिंव्हासनांय बी
तुकयता आपली मान...
अशे क्रान्ति-रूप जनतेक
म्हजे शत शत प्रणाम...

* केदार ह्या हिंदी कविच्या अेके कवितेचेर आधारिल्ले हे कवितेचो अणकार "साधना" ह्या मराठी नेमाळ्यांत अुजवाडाक आयिल्लो.

सोन्याच्या दर्यार!

मनीस
अेकदां काय
सोन्याच्या दर्यांत
खोल खोल
बुडयो मारून
ताचो ठाय
पळोवपाक
संवकलो...

कि
ल्हवु ल्हवू
ताचें मन
गिन्यान
अभिमान
जिणेचो हावेस
सगलें सगलें...
बुडून बुचकळून
बुचकळून बुडून
ठार ठार
मरता.

आनी निमाणें
अुरता
तें ?

ताचें मडें...
सोन्याच्या दर्यार
अुफेल्लें...

मनीसपण
नासलेल्लें !

वेंगुर्लें २२-८-६२

मुदल

तुजें म्हजें नातें
अुधारेचें खातें...

व्याज अुरूं...

मुदल तरी,
बुडोवं नाका !

वेंगुर्लें, ९-४-६१

तुजी म्हजी सत्ता

तुका म्हाका सत्ता
बेठी दिल्या देवान...

चेपिल्ल्यांक चेपून
अुडोवपाक !

वेंगुर्लें, ११-१-६१

फातराची पुजा

तुजी म्हजी भक्ति
देव खंयचो तातूंत !

फातराची पुजा
फातराक ! !

वेंगुर्लें ११-१-६१

हांव अेक ल्हान मनीस

हांव अेक ल्हान मनीस. सामको ल्हान...
सामको म्हळ्यार सामकोच...!
...पृथ्विच्या ह्या टोंकार, पुर्वे कडल्या
अेका गरीब देशांत...
भारतांत...
साडे-पांच लाख गरीब खेड्यांच्या देशांतल्या
अेका ल्हानशा खेड्यांत...
म्हजी अेक सानुलीच खोंप आसा. चंद्रमौळी.

माडाच्या चुडटांनी शाकाल्लेली
ताच्या दोरयांनी बांदलेली...
चार जंगलांतल्या मेडींचेर अुबाल्लेली.
पन्नाशेक चौरस हातांचे जमनीर,...
तीय बी खूद म्हजी न्हय,...
अुबाल्लेले हे खोंपीक हांव म्हजी समजतां.
आनी तांतल्या काळखांत
बसून म्हजीं सपनां रंगयता...

गिमांत सकयली जमीन रखरखता...तेन्ना
लागसारच्या दोंगरा वयले विखारी सोरोप
म्हज्या आलाशिऱ्याक येतात. खोंपीक व्हडप ना.

म्हज्या गरिबाच्या खोंपींत, मांजरां, कुत्रीं, कुकडां, वानर, सगळीं येतात.
पावसांत तांतूत ओल आसता.
खोंपीक बुन्याद जमनिचीच...
दुसरी बुन्याद ना.

ताका लागून, जमीन तापली
कि खोंप रखरखता...
पावस पडलो कि सगले कडेन ओल.
थंडिच्या दिसांनी हांव कुडकुडटां.
म्हजे निदतना घालचे, पांगुरचे
आनी भायर भोवूंक वेतना घालचे...
शेतांत वा कामार वेतना घालचे अशे
वेगवेगळे कपडे नात.
तेच, तेच कपडे...
पावस पडलो कि हे कपडे घालचे शेतांत वचें...
घरांत आयलों कि ते भिजलेल्या कपड्यांनी गारठून
हात-पांय आंखडून
आपल्याच आंगाचे अुबेंत कशी तरी रात काडची...
असो हांव जियेतां.

जमीन हांव कसतां ती दुसऱ्याची...
म्हजे कडेन पैशे खंयचे! बँकेंत दवरपाक?
खंय तरी दीसभर राबून रगताचो घाम गळोवन
जें हांव मेळयतां...
तें म्हाका आनी घरच्यांक खावंकूच पावना.
बँकेंत कितें दवरूं?

शीक पडलों जाल्यार कामार वचें बंद.
खावंचीच मारामारी.
वखतां खंचीं हाडूं?
आपशींच बरो जालों, बरो. मेलों जाल्यारूय बरेंच
जिणेच्या कटकटींतल्यान अेकदांचो सुटलों तरी...!

म्हजी बायल म्हजे बराबरूच
काम कश्ट करता...
म्हजे सारकेच हाल सोसता...आनी म्हजेर प्रेम करता.
आनी हांव तिचेर.
म्हणून आमी दोगांय
कशींबशीं जीव धरून आसांत.
(प्रेमांत शक्त आसता...
धर्तरेचो रखरखाट, थंडिचो हाडां आंखडून अुडोवपी गारठो, सोंसपाची...)
अशें म्हजें जीवित.

पुण हांव आस धरून आसां
ती संयुक्त राश्ट्रांची...मोटमोट्या राश्ट्रांची...
संयुक्त राश्ट्रांची केदी मोठी
मळबाक तेंकणारी अिमारत आसा खंय !
—हांवें फक्त फोटो पळेला तिचो.
तातूंत मोटे मोटे, क्रुश्चेव, 'आयक' बी...येतात खंय !
मोट्यो मोट्यो मेजवान्यो
अेकामेकांक दितात.
तें आयकून म्हच्या तोंडाक अुदक सुट्टा.
आनी आमचो नेहरूय बी थंय वेता खंय, केन्ना केन्ना,
तें आयकून अभिमान दिसता म्हाका...
मोटो अभिमान...
आनी नेहरू थंय वेता देखुनूच दिसता,
कि आयज ना जाल्यार केन्नाय पुण
म्हाका बरे दीस येतले...
ह्या जल्मांत ना जाल्यार फुडल्या जल्मांत तरी

...आत्मो मरना न्हय ?
"ना हन्यति न हन्यन्त्ये !"

तो म्हजो आत्मो...म्हज्या व्हड व्हड भावांनो
रशिया, अमेरिकेच्या भावांनो...
तुमचे कडेन दोळे लावन आसा.
तुमचे मदीं, आनी नेहरू मदीं, जीं अुलोवणीं जातात
तीं हांव आयकतां.

तीं अेकदां बरे भाशेन सोंपचीं,
आनी युद्धा खातीर
खर्च जातात ते अब्जांनी रुपया
थारचे; अशें म्हाका दिसता.

कित्याक जाय तीं युद्धां ?
युद्धानी कितें बरें केलां ?
गेल्ल्या दोन महायुद्धांचीच गजाल पळेयात...
कितले लाखांनी लोक मेले
कितले कुड्डे, थोंटे, पांगळे जाले...केदो विध्वंस जालो !
कितलीं घरां-दारां, बायलां, भुर्गीं बाळां
जळून खाक जालीं...फुकटचीं...
आनी पैसो ? आरे बाबा...म्हज्या...
जो पैसो खर्चिल्यार सगळें जग...
अुदेंती पसून पश्चिमे मेरेन शेकानशेक...
फुलतलें आसलें...आनंदान झुलतलें आसलें. सर्ग सारकें जातलें आसलें !
तो पैसो, हें जग हुल्पोवंक, ताचो गोबर करूंक खर्चिलो !

मनशाची कितल्या शेंकडयांनी वर्सांची कमाय
कितल्यो पातमाऱ्यो, बोटी, विमानां, मोटारी
दाणो गोटो, कपडो-लत्तो
सगल्याचो अिबाड करून अुडयलो...!

आनी हांव हांगा, आजुनूय अुपाशींच ?
नागडो-अुगडो...सदांच...
पांयानी रखडटां. थंडीन कुडकुडटां.
ओलीन ल्हिदतां !

जगभर केदे केदे टोलेजंग वाडे जळून गेले...
पुण म्हाका आसरो घेतलो म्हळ्यार
चार वटेन आडायली मातयेची अेक सादी कूड ना... !
पणटेंत पणटीभर तेल ना, अुजवाड ना...
सादोय अुजवाड ना गिनानाचोय ना...
हांव हांगा काळखांत कुसून मरतां गा !
आनी म्हजे सारकेच कोटयांनी म्हजे भावूय बी !

तुमीय म्हजे भाव...
तुमी नवे नवे सोद लायले...
वखदांचे, रेडियोचे, विजे-गाडयांचे, मिशिनांचे...
विमानांचे. लाखांनी...सोद लायले...
पुण हांव गरीब. म्हजो देस गरीब.
म्हजे सारक्या कोटयांनी लोकांक
आजुनूय नाना तरेच्या दुखण्यांनी—वखदाविणें...
तळमळून मरचें पडटा.
विमान म्हज्या गांवांत पळोवंक लेगीत मेळना
बसपाक आसूंच...

भावांनो तुमकां म्हजी यादूच जायना ?
मनीस सगले सारकेच मूं ?
देवानूच निर्मिले ?
जाल्या कांय जाणांनी सुख भोगचें...

बाकिच्यांनी किड्या सारकें तळमळचें ?
कांय जणांनी कांय जाणांक नाकांत दोरयो घाल्न
पिळून पिळून खावंचें ? अशें कित्याक ?...

आमकां सुखान, शांततायेन, प्रेमान, आनंदान
मनीस म्हणून जियेवंचो
अधिकारूच ना ?

'सिंगरा'न शिवणाच्या मिशिनाचो सोद लायलो
बायलांचे त्रास वांचोवपा खातीर...
पुण म्हजी बायल आजुनूय, म्हजे पिंजिल्ले कपडे शिंवता...
—सादी सूय घेवन. दोळे ताणताणीत.
अेका अेका धाग्या बराबर तिका बावडेक केदे कश्ट पडटात !

रेडियो म्हजे कडेन ना. वीज ना.
सादे पेत्रोलाचे दिव्यांच्या
काजळान आमचे डोळे बिलबिलतात.
दोंगरा शेतांतल्या कुचकुचीत खडपांचेर
घांसून घांसून,
म्हज्या आनी म्हजे बायलेच्या पांयांच्यो चाळणी जाल्यात गा !
भेगो पडल्यात. जमनीर पांय दवरूं नज.
पुण आमकां दोगांकूय
दीस-रात चलचें पडटा.
अनवाणी पांयान रखडचें पडटा. पोटा खातीर !
पांयांत व्हाण, जुतें ना. बसपाक मोटार ना.
सुजल्ल्या पांयांक लावंक दोन पैशांचें वखद ना.

तुमचे सोद आमचे खातीर न्हयूच तर ?
सिनेमा, संगीत, नाटकां, कला, गिन्यान, विज्ञान...
हांतलें आमकां कांयूच ना ?

कित्याक ? आमी अशें कसलें पातक केलां ?
गरीब देशांत जल्म घेतलो हेंच आमचें पातक ?
काय, काळ्या आवय-बापांयच्या
पोटान जल्म घेतलो हें ?
अितलोच मूं आमचो गुन्यांव ?
आनी त्या गुन्यांवा खातीर
आमकां येदी मोटी ख्यास्त ?
म्हज्या भावांनो, सांगात...सांगात...!

चंद्राचेर अशें कितें आसा ?...
जें पळोवपा खातीर कितले परार्धांनी रुपया
तुमीं खर्च करतात...
लढायांचेर कितले करतात...
तांतले थोडे आमचेर,
तुमचे पृथ्वी वयल्याच भावांचेर खर्च करून
पृथ्विचो मात्सो बारकायेन
सोद घेतलो जाल्यार...
तुमकां पुण्य लागचें ना ?
हांव आनी म्हजे कोटयांनी भाव ..
आमचे सारकेच आशियेंतले आमचे अब्जांनी भाव
तुमकां आशीरवाद दिवंचे नात ?
पळेयात ?...हे आशीर्वादाक...
प्रेमाच्या आशीरवादाक आनी बरें मागपाक
कांयच किंमत ना ?

केदीं केदीं भयांकृत
आनी अजस्र
संकश्टां आमचेर येतात...!

आदींच अुपाशीं आमी...
अर्द-पोटीं, अर्द नग्न आनी नाडलेले, पिडलेले...
—तांतूत दुकळ...
न्हंयांचे पूर, वर्सा कणकणीं येवन...
म्हज्या भावांच्या
आनी खासा म्हज्या
तोंडचो, अन्नाचो घांस ओडून व्हरता...

गांवाचे गांव, मनशां, जनावरां
बुडोन अुडयता. ओस घालता.
कित्याक, न्हयांचेर धरणां बांदूक आमचे कडेन पैसो ना.
दरवर्सा हजारांनी लोक सोरोप चांवून मरतात.
लाखांनी मलेरिया, फ्लू, देवी, पटकी—कॉलऱ्यान मरतात.
क्षयान, कॅन्सरान मरतात.
पुण योग्य ते अुपचार करपाक आमचे कडेन
वखदां नात. डॉक्टर नात.
अिजेसांवां-हास्पिटलां—नर्सी नात
कित्याक...आमचे कडेन पैसो ना!
कितले कुड्डे विस्वास...
कितल्यो भ्रामक कल्पना...आमच्या देशांत
अज्ञानाक लागून, लोकांक मातयेक मेळयतात.
पुण तांका गिन्यानाचो अुजवाड दाखयतलो
म्हळयार आमचे कडेन पैसो ना!

आमी जियेवंचें कशें?
ह्या भयांकृत जगांत?
अशा नरक-यातनांत?
सांगात...म्हज्या व्हड, व्हड भावांनो सांगात!

देखून...
तुमचे कडेन दोळे लावन...
हांव, म्हजे खोंपींतल्या मिणमिणट्या
अुजवाडांत बसून
आशेन आसां...
कि आयज ना फाल्यां
तुमकां आमची याद जातली.

आपलेच भाव, आपलोच देस, आपलीच समृद्धी, आपलेंच गिन्यान,
अशी तुमची आकुंचित वृत्ति वचून
आयज ना फाल्यां तुमकां आमचीय याद जातली...
कि आमीय तुमचे भावूच
तुमचेर प्रेम करपी,
अगदीं अंतस्कर्णां पसूनचे प्रेम करपी...

आनी ते दिसा
सगलो संसार हें अेक राष्ट्र
सगळे रंग, काळे-गोरे
हांची अेकूच जात-मनीसजात...
अेकूच धर्म-मनीसधर्म...
अशें तुमकां दिसतलें—ते दिसाची वाट पळेतां...
म्हजे व्हड व्हड भावांनो हांव आशेर जगतां
फक्त आशेर जगतां...

म्हज्या मोगाळ भावांनो देव बरें करूं
आनी तो दीस येवं...
बेगीन येवं, बेगीन येवं...
बेगीन येतलो...?

बेगीन येवं...
ते म्हणसर हांव रावतां...

हांव गरीब...
हांव अेका गरीब देशांतलो गरीब गनीस, हें खरें...
पुण म्हजे व्हड, व्हड भावांनो,
हांव तुमकां अुलो मारतां तो अुलो...
अेका भिकाऱ्याचो अुलो मात न्हय हां...

म्हाका तुमची मदत जाय.
मदत जाय...भीक न्हय....!
म्हाका मदत जाय ती म्हज्या विश्वकुटुंबांतल्या म्हज्या भावांची...
भावान भावाक दिल्ली मदत म्हणून जाय....

म्हजो रंग, म्हजो देश, म्हजी जात
म्हजो धर्म, म्हजी भास......
कसलो, कोण, कितें, खंयचो
हाचो मात पुण विचार करिनासतना...
प्रेमान...फक्त प्रेमा खातीर...
मनीस जातीच्या अुद्धारा खातीर...
मनीसपणाच्या धर्मान...
"सगलें विश्व म्हजें घर" अशें मना पसून मानणाऱ्या
मनशान दिल्लो प्रेमाचो हात म्हाका जाय...

म्हज्या व्हड व्हड गिन्यानवंत भावांनो
तुमकां सांगपा अितकें गिन्यान म्हजे कडेन ना...
खरेंच, हांव फट सांगना...
म्हजें गिन्यान अेका मातयेंतल्या साद्यासुद्या मनशाचें.

व्हड, व्हड गिन्यानाचीं पुस्तकां हावें वाचूंक नात.
तत्वज्ञान म्हणटात तें म्हाका समजना.
व्हड लोकांच्यो चालीरीती म्हाका खबर नात...
फ्रेंच, जर्मन, रशियन
आनी जगांतल्यो हजारांनी वेगवेगळ्यो भासो
म्हाका कळनात...
क्रांति, राज्यशास्त्र, समाजशास्त्र, मानसशास्त्र
नीतिशास्त्र, तर्कशास्त्र...
हांतलें म्हाका कांय कांय कळना.

म्हाका अेकूच कळटा...
कीं हांव मनीस !
माका मनीसपणाची भास कळटा.
मनीसपणाचो धर्म कळटा.
आनीक कांय म्हळ्यार कांय अेक कळना.

कातिंचे रंग, जातिंचे भेद
निरनिराळे धर्म, पंथ, म्हाका कळनात.

पृथ्वीवयल्या सगळ्या मनशांनों
तुमी म्हजे भाव अितलेंच म्हाका कळटा.
तुमकां म्हजो आवाज आयकूंक येत ?
म्हजी भास...सादी कोंकणी भास...
तुमकां कळत ?
म्हजे सादेसुदे, भाशेंतल्यान अुकतें केलें
म्हजें काळीज...
आनी तांतलें तुमचे विशिंचें अुपाट प्रेम, तुमकां दिसत ?...

दिसल्यार, म्हजे अुल्याक ओ दिल्या बगर तुमी रावंचे नात.
म्हजी भास तुमकां समजूं...
म्हजे विशीं, म्हज्या देशाविशीं, आनी म्हजे सारक्या...
काळखांत, नी अज्ञानांत जियेणाऱ्या
अब्जांनी भावांची वळख आनि सोद
चंद्राच्या सोदापरस...
आनी लढायांच्या झुंजां परस
अदीक म्हत्वाचो, हें तुमकां तुमकां कळूं
अशें म्हणून हांव रावतां....

अुमेदीर आनी आशेर...हांव रावतां...
तो दीस वेगीन येवं !

पाळें, १०-९-६०

पैसो...पैसो...पैसो !

पैसो कसो करचो
लागलां म्हाका ध्यान...
पैसो अेकठांय,
पैशा खातीर...!

पैसो म्हजी कूड
पैसो म्हजें मन
पैसो म्हजी जीण
मरसर...

पैशार पैसो केलो
बँकेंत भरलो
मेळोवपा खातीर
सर्गसुख...

सुख अुल्लें बँकेंत
सर्ग गेलो सर्गार...
दुःख म्हज्या बराबर
दुखां गळयता !

मुंबय, २०-१२-६२

सोरपाचे...दांत

मोतयाळे दांत
हांसपी अडेचें...

मनांतलो घात
लिपोवपाक !

पाळें, ३१-८-६२

म्हजो अुजो...तुजो गोबर

तुजीं लांकडां
आनी
म्हजे विंगळे
मेळून...

म्हजो अुजो
फुलता.

घडये,
तुजो गोबर
जावंये !

वेंगुर्लें, १२-६-६२

‘अप्रियं सत्यम्’चें कितें ‘क्रुयात्’?

“सत्यं ब्रुयात्...
प्रियं ब्रुयात्...?”

नांव सिंज्योर !
Não senhor !

‘प्रियम्’ तितलेंच...
‘सत्यं ब्रुयात्’??

आनी...

‘अप्रियम्’ पुण ‘सत्यम्’ चें
कितें “क्रुयात्”[१] ?!!???...

मुंबय, १-१-६२

[१] “क्रुयात्” म्हणचे करुयात !

कवी बाबडो मरून गेलो ?

अेक आसलो कवी
आनी अेक आसलो मनीस...!

पयलो आपलो सादो–भोळो
दुसरो मोटो बुद्धीन भलो...

पयल्यान कविता केल्यो.
दुसऱ्यान आडायलो धंदो...

धंदो, आद्वोगासिचो...
वैजकिचो, अिजनेरकिचो,
तरेकतरेचो...

धंदो केलो, धंदो केलो
धा वर्सांनी घडघड घालो...
घडघड घालो...घडघड घालो
सगले वटेन व्हड जालो...
पैशांनी...मानान आनी हेर तरेन.

आनी कवी ?...
तो बाबडो, कवीच अुल्लो
कवितांच्या वेंटाळ्यांत घुस्पल्लो.

ताणें बरयल्ल्यो कविता...
धाय वर्सां...अुपास काडीत
लिखणी झरयत...कविताच कविता !
फुके सवाय...कोणाक नाका आशिल्ल्यो, कविता ! !

...धा वर्सांनी, मनशां मद्लो...
कोण जेनेराल जालो
कोण जुवीज, कोण संपादपी,
कोण अुद्योगपती, कोण मिनैर,
कोण ब्लेकीस्त, कोण कितें
तर कोण काय...!
"हांगाचें बोट थंय करूंक
हजारांचें पाग जाय!" म्हणपी, असो!

कवीन, धा वर्सां अुपरांत...
हाडलीं अुजवाडाक...पांच पुस्तकां...
आपल्या, काळखांत धूळ खायत
पडिल्ल्या...अपुर्बायेच्या कवितांचीं!...

पांच पुस्तकां...चार चार रुपयांचें अेक...अेक...
पांचांचेय मेळून रुपया वीस!...

वीस रुपयांतले...धा गेले छापखान्यांक...
पांच...व्हेले, पुस्तकां विकपी अेजंटांनी...
दोन खाले हमालांनी...ब्लॉक वाल्यांनी, आनी हेरांनी...
बाकी अुल्ले फक्त तीन...!

हेर सगल्या वस्तिंचे बाजार तेजिचे...'वधारलेले...'
कवितांचो मात् घडघडलेलो...
मुळा पसुनूच...भितल्ले भितरूच...!
वयल्यान दिसपाक, धा वर्सांच्या वावराक, वीस रुपया...?
पुण खरे तिनूच!...

आनी तेय बी...कविता खपल्यो जाल्यार...!!
'ऑन सेल बेसीस!!...'

धा वर्सां, दीस-रात, अुसरपत नासतना...
रगत आटोवन बरयल्ल्या
शंबरां वयर कवितांचें मोल
तीन रुपया! तिनशें नवे पैशे!!
आरे म्हज्या बाबा!!!
तिनशें नव्या पैशांक...पांटलीभर कविता?
दोन दोन नव्या पैशांक अेक अेक कविता...!!

...कवी...(कवीच तो!)
कवी...मोटो धादोस जालो...!

खरें पळेल्यार...
दोन नव्या पैशांक कितें येता?...

खाड काडपाक, म्हालो घेता वीस नवे पैशे...
बुटांक पॉलीश मारपाक चामार म्हणटा
"अुडय नवे पैशे बारा...ना जाल्यार चल घरा!"
सिगार आसूंच, सादे विडयेक लेगीत
पडटात मगा तीन नवे पैशे...खणखणीत!

पुण अेक दीस अकस्मात,
बाजारांत बशिल्लीं पळोवन कवितांचीं पुस्तकां,
घेवन आपल्या माथ्यांर...लेबलां "चार रुपया" मोलाचीं
...विडयां-बंडलां शेजारा......
गिरायकाच्या मनान खवदळ घालो!

अकस्मात अुप्रासलो
त्या हिशोबी मनांच्या हिशोबी गिरायकां मुखार...
अेक नवोच प्रस्न...
सवाये–म्हारगायेचो अेक मोटो बिकट प्रस्न:

"अेक कविता...आनी अेक विडी...
ह्या दोंय मदीं कविता चड मोलाची
काय विडी?" असो तो तोलादीक प्रस्न!

आनी तो अुप्रासल्या बराबर...
गिरायकांच्या मनांनीं दिली गवाय
खिणाचोय वेळ लायनासताना...
"विडी!...कविता न्हय, विडीच!!" अशी ती गवाय...

...कित्याक...

"विडी फुसफुसावपाक मेळटा...
कविता कित्याक अुपकारता?
देखून...दोन पैशांक कविता म्हारग...
पुण, तीन पैशांक विडी सवाय"...!

आनी, अशी जेन्ना दिली गवाय...

मनशां सारक्या मनशांच्या
मनांनीं...शाण्यासुरत्या...बुद्धीन भल्या...
शिकिल्ल्या सवरिल्ल्या...अशा
मनशांच्या...मनांनी...

"हांगाचें बोट थंय करपाक
हजारांचें पाग जाय" असो
आग्रो धरपी व्हडव्हड मनशांच्या...
मनांनी दिली, अशी गवाय !
"बोकडो वेता जिवानशीं आनी
खावपी म्हणटा वातड" ह्या अुरफाळ्या
न्यायान...!

तेन्ना...हाय...हाय...हाय...हाय
हाय ! हाय रे देवा ! हाय हाय... !

...ह्या मनशांच्या (!) संवसारांत...
...दोतोर, आदवोगाद, प्रोफसोर,
मिनैर... ब्लेकीस्त...व्यापाऱ्यांच्या...हाय, हाय !
कवी बाबडो मरून गेलो
अुपास काडीत मरून गेलो...

अुपास काडीत मरून गेलो ?
मात् अिल्लो पुण ना निरशेलो...मरमरेन !
त्या व्हड व्हड मनशांच्या
पोक्या गवायांक लागून ! !

तो गायत गायत मरून गेलो...
कविता बरयत मरून गेलो...

अुपास काडीत मरून गेलो...!
पुण, कवितांतल्यान अमर जालो ! !

कवी बाबडो मरून (!!) गेलो...???

मुंबय, १२-१२-६२

जोडणी....

हातूंत म्हज्या कांय
अिंग्रजी आनी मराठी
काव्याचे नमुने दिल्यात.

र. वि. पंडित

ALAS ! KASTURBA—

The Treacherous wheel of Time ever moves,
Silencing alas ! myriad lives in its merciless grooves
Massacring God-like souls and moths all alike—
—But, out of Divine sepulchres rises a rhythm
That ringing through all Humanity
Defies all "Time"—

Hind-Praja.

THE LINGERING LIGHT

The dimpled smile on my Beloved's face
And a jostling flower of innocent grace—
Both, I love.
The comeliness of Her flowing hair
And jasmines that bedeck them fair—
Both, I love.
The moisture on Her tinted lip
And a silver drop on a lotus-leaf—
Both, I love.
The blushing glimmer of Her downward look
And a moonbeam on a murmuring brook—
Both, I love.
The affection in Her affectionate eyes
And endlessness of the infinite skies—
Both, I love.
But the Lingering Light, in Her cosy chamber
Burning late ? with its flame of amber—
Is all, all I love.

A LOVE SONG

I have found my gold in thy hair
My myriad pearls in thy ivory teeth ;
I have found the magic in thy stare
That betrays all hidden love beneath.

I have found my stars in thy looks,
And Moon that gilds in heaven above ;
I have found the music o'brooks
Pouring through thy whispering love.

I have found my shrine in thy heart
My worship in thy flowery smile ;
I have found all secrecies of Art
Unveiled to me in thy sweet profile.

I have found my warmth in thy touch
My hope is in thy breathing breath ;
I have found my all, I avouch
Within you—my Life, my Death.

—*Minimag.*

SLAVE'S BLOOD

Once there was a festival of the reds
To which came all reds of the world
The scented red of the lily flower,
The golden red of the morning sky—
The rainbow-red of the sun-mingled shower,
And muddiness of the river by—
The artful red of the finger-tips,
The glistening red of the silken tie
The frightening red of the painted lips,
And the bashful hue of the virgin's eye,
The murderous red of the insolent might,
The roseate red of the freedom's birth—
The smothering red of the national fight,
And all other redness of the Earth—
But, when the festival began,
In a corner a pitiable red did stand—
It was the colour of an enchained *Slave's Blood*.

(*With apology to H. Chattopadhyaya*)

"O BUILD ME A NEW WORLD"

The smoke of the Guns is fowling the skies
Barring the sun from my weary eyes;
And as I stand beneath this stinking canopy of
smoke,
Lifting my eager looks on the far away gloom,
I hear heart-rending cries
Of multimillion men and women
Struggling for existence.
Multimillion men and women
Passing by the hazy skyline
Dark against the skies
Weary and staggering—
And yet, marching ahead undaunted
On through the Flames of Death
To defend Human Liberty
—Steel bullets tinting their wan smiles
—Exploding shells lulling them to eternal sleep.
(Hai! My eyes are tired)
And on this side of them—
I see multimillion men and women
Naked, hungering, forlorn—
In their own sweet Home, homeless
Lost and dying.
Intoxicated individuals plastering their hearts
Against the broad Divine Ideals of liberty
And holding a whole people captive
For the lust of Empires.
Dungeon upon dungeon filled with men
Men, coppered with sweat, unkempt and soiled
Covered with dust, and bound to the chains.
God-like—Men sitting crouched in gaols,
Mute with oppression, wearing out
Their precious lives in silent obscurity—
Why! No one to defend their rightful liberty?
No one to defend their Dark Human Skin! Why?

Their scars stare at me from every turn,
Their half-starved images break,
Into the secrecies of my heart,
Strong and turbulent, and humiliate me.
    My eyes are tired—
Tired, to see this slave compulsion everywhere,
Tired to see this shrinking humanity all around.
    Why, with the strength of my longings,
    And despair of my faded hopes—
I sigh at Thy Lotus Feet, O My Redeemer,
Come with the tidings of Freedom

And build me a World—
A world, unlike the present one
That is craving for "Blood and Tears",
But a world chaste and pure with sempiternal
    Peace.
Wherein there be power for all men,
(White, Black, Yellow and rest)
Power to sway the Soul's ecstasy.

    A world resilient—
Where crystal stream of love flows down
From heaven, to every human heart—
Where men are free from the scald
Of labour's yoke—
    With no men lusting for riches
    No greed for gain
    No ambitions blind and lust of power
    Sway the human passions.
    A world, where no winters will assail
    No suns scorch
    No plunderers penetrate
    No metallic chains will bleed the tender
        human skin
    For the pride of some Mad Heretics.

O build me a world—
A world, with dulcet shades of Beauty—
Where the horned shimmering moon,
Of Thy Kindness, ever raises up her peaks
    In divine effulgence.
Wherein every morn will open my eyes
    To loveliness—
Mine ears, to affection's tender voice
And mine heart to Thy sweet ecstasy
O build it with vision, build inspired
Build me a World, My soul is tired.

Hind-Praja and *Indian Sociologist.*

दासाचें रक्त

पंचमी बहरली सकल लाल वर्णांची
त्रिभुवनांतुनि ते आले, मजलस त्यांची !
तो लाल सुगंधित अरुण राग कमळाचा
ती स्वर्णरक्तिमा फुलत्या आकाशाची

रश्मींची जाळी घालुन अपुल्या भाळीं
ही इंद्रधनूची आली लाजत लालीं
जलवैभव उधळित नदी चालली प्रमदा
ही आली दुसरी नाचत तिचिया गालीं

नखरेल नटीसम नखांवरिल ही मेंदी
हा गळपट्टीवर दौडत ये कुणि छंदी
हा कांपवीत ये सकंप कुणि अधरींचा
हा दुजा लाजरा कुमरींच्या नयनींचा

हा मंत्र लाल ये सुलतानी दंडाचा
हा गुलाबकांती अर्भक–स्वातंत्र्याचा
धुमसता लाल हा कार्तिकेय राष्ट्राचा
अन् सकल राग आरक्त वस्तुजाताचा

परि अस्पृश्यासम गाळित अश्रू कोणी
निरखित हा उत्सव उभा अधोमुख कोनीं
लोहांत अडकल्या दासांच्या रक्ताचा
आरक्त वर्ण तो जाय काळवंडोनी...

सत्यकथा.

IN THIS FAMISHED GOA

This poem is supposed to be the song of Goa's soul, groaning under Portuguese tyranny. Starving for Freedom.

I have no shelter—
No cooling shade—
No friend—
No love—
Nothing—
I am hungering alone.

My voice is feeble—
I cannot sing.
My looks are faint—
I cannot see.
My skin is parched up—
I cannot feel.
My heart is stone—
I cannot love
My tears are spent—
I cannot weep.

—I have no peace of mind,
No longing,
Nothing—
I am hungering,
To death,
Alone!
—But Time heeds not
And the world rushes on
Cold and indifferent
And here,
Here in this famished land,
This my Goa,
—Unseen
—Unheard
—Bare and silent
I lie gazing—

Hungering under night's pale solitude—
Hundering under day's scorching sun—
Gazing into the void,
For a crust of bread—
Praying breathlessly,
For a morsel of rice.

—Ha ! cold breath—
Cool, cool away my self-consuming pain !
Ha ! scanty tears—
Wash, wash away my life's oppressing strain—
Life that should have been,
Flower like,
A sweet obeisance.
Life that is
Like trodden grass ;
A wretched nothing.
Would that I was never born—

Would that
I had never lived—
Than born and lived
To starve like this !
—But no !
My luck would have it
Have it all, with its bitter mockery,
And endure it.

—And that is why
Having spent my bountiful life
In sweat and toil,
In this Goa—
Hearing fine tales of "Brotherhood"
From my Christian (!) rulers—
I lie
Here in this deserted place
Sans shelter
Sans Mercy
Dying
A L O N E !

—*The Bharat Jyoti*

(दुसऱ्या कव्हरा वयल्यान)

कामाची घामसाण आसा,
रगताची तामसाण आसा,
ओताची हूनसाण आसा,
जिणेची तिकतिकसाण आसा.
हें अुतर भाटांतलें, शेतांतलें,
आगरांतलें, खोपींतलें.
हें गावड्याचें अुतर म्हणचे
कोंकणी काव्याच्या
जीवसाणिची खूण.
कोंकणी कवी आपल्या
मुळ–पुरसा कडल्यान स्फूर्त
घेता. मुळाक अुदक घालून
नवी जीण पोसता."

र. वि. पंडित हांचे
कोंकणी कविता–संग्रह

१ **धर्तरेचें कवन**
रुपया ३ : ५० नवे पैशे
२ **चंद्रावळ**
रुपया ३ : ५० नवे पैसें
३ **आयलें तशें गायलें**
रुपया चार
४ **म्हजे अुतर गावड्याचें**
चार रुपया
५ **अुरतलें तें रूप धरतलें**
चार रुपया

कोंकणी भाशा
मंडळ, मुंबय

र. वि. पंडित :--अखिल भारतीय किर्तिचे फोटोग्राफर आनी नामेनचे बरोवपी. जल्म गोंयांत. मुळावें शिकप गोंयांत आनी वयलें शिकप पुण्यांत जालें.

१९४१-५४ ह्या काळांत भारतांतल्या कांय नामनेच्या अिंग्रजी आनी खुबशा मराठी नेमाळ्यांनी तांगेलें फोटोग्राफी, गोंयची जीण आनी संस्कृताय...ह्या आनी हेर विशयांचेर वैचारिक आनी ललित बरप अुजवाडाक आयलें. अिंग्रजी आनी मराठी कविताय अुजवाडाक आयल्यो. खेरीज, ह्याच काळांत प्रेस फोटोग्राफर आनी खास बातमीदार म्हणून ते वर्सभर महात्मा गांधिंच्या सहवासांत अुले.

ह्या काळांत तांणी घेतिल्ले गांधिजिंचे शेंकड्यांनी फोटोग्राफ भारतांतल्या बहुतेक सगल्या भासांतल्या नामनेच्या वर्तमानपत्रांतल्यान अुजवाडाक आयल्यात. लाखांनी घरांनी पावल्यात.

फोटोग्राफिच्या अखिल भारतीय स्पर्धांनी तांकां कितलींशीं बक्षिसां मेळ्ळयांत. १९४८ त गांधिजिंच्या फोटोंच्या प्रदर्शनांत पयलें बक्षीस-गोल्ड-मेडल मेळ्ळें.

१९४९ त, गांधिजिंचो ज्या ज्या संस्थां कडेन संबंद आयलो त्या त्या संस्थांचें आनी गांधिजीं कडेन संबंदित अशा गुजरात, काठेवाडांतल्या म्हत्वाच्या स्थळांचें छायाचित्रण करपा खातीर श्री. काका कालेलकरांनी तांची निवड केली.

१९५० ते १९५४ मेरेन कै. पू. साने गुरुजिंचें आंतर-भारतिचें सपन साकार करपाच्या हेतान तांणी "भारती" हें मराठी नेमाळें पांच वर्सां चलयलें.

१९५२ पसून तांणी कोंकणींतल्यान बरप सुरू केलें.

१९५४ ते १९६२ ह्या काळांत रचिल्ल्या काव्याचे कांय अप्रुप नमुने **'आयलें तशें गायलें', 'म्हजें अुतर गावड्याचें', 'अुरतलें तें रूप धरतलें', 'धर्तरेचें कवन'** आनी **चंद्रावळ** अशा पांच काव्यसंग्रहांच्या रुपान आयज वाचप्यां मुखार येतात. फोटोग्राफी आनी लोकसाअित्य हे तांचे मुखेल छंद.